# अपना घर प्रकल्पात झाडां रोवपाचो कार्यक्रम जालो

ता. 4 ऑगस्ट 2017

13 श्रावण 1939

तिसवाडी कायदो सेवा समितीन उत्तर गोंय बाल न्याय मंडळाच्या जोड पालवान मेरशेच्या अपना घरातल्या भुरग्यांखातीर झाडां रोवपाचो कार्यक्रम आयोजित केल्लो.

सत्र न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधीश इर्शाद आगा, मुख्य न्यायदंडाधिकारी पूजा सी. कवळेकर, बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याच्यो संचालिका रूही रेडकर, उत्तर गोंय कायदो सेवा प्राधिकरणाच्यो सचिव शबनम शेख हया कार्यक्रमाक हाजिर आशिल्यो.

अपना घरातल्या भुरग्यांक पर्यावरणाचे म्हत्व पटोवन दिवन तांचेमदी झाडां रोवप तशेंच बागकामाविशी आवड निर्माण करप हो हया कार्यक्रमाचो उद्देश आशिल्लो.

हया वेळार मानेस्तांनी तशेच अपना घरातल्या भुरग्यांनी झाडांचे रोपे लायले. तशेंच शेती खात्यावतीन दिल्ले पालेभाज्याचे बियाणे किल्लूपाक घातले.

पालवी शेतकी अधिकारी श्री. रूद्रेश कांबळी आनी एला फार्मचे उपसंचालक शोभम उगवेंकर हांणी झाडांचे रोपे रोवपाक आनी पालेभाज्यांचे बियाणे किल्लूपाक घालपाक मार्गदर्शन केले.